# डॉ. देवदत्त पाटील आनी श्री. पुंडलीक नार्वेकर हांकां राजभाशा संचालनालयाचो पुरस्कार

ता. 9 सप्टेंबर 2021

गोंय सरकाराच्या राजभाशा संचालनालया वतीन भेटोवपात येवपी प्रतिश्ठेचो दुर्गाराम उपाध्ये संस्कृत भाशा पुरस्कार" रिवणेचे नामनेचे संस्कृत भाशा पंडीत महामहोपाध्याय डॉ. देवदत्त गोविंद पाटील हांकां जाल्यार बा.द. सातोस्कर मराठी भाशा पुरस्कार श्री. पुंडलीक शिवराम नार्वेकर हांकां भेटयलो. कोवीड म्हामारीक लागून हे पुरस्कार जाहीर सुवाळ्यांत भेटय नासतना पुरस्कार प्राप्त जाल्ल्या विद्वानांच्या घरा वचून ते भेटोवपात आयले.

डॉ. देवदत्त गोविंद पाटील हांका रिवणच्या श्री विद्या पाठशाळे जाल्यार श्री. पुंडलीक नार्वेकर हांका तांच्या कुळेंच्या घरांत जाल्ल्या ल्हानशा सुवाळ्यात राजभाशा संचालनालयाचे संचालक श्री. प्रसन्न आचार्य हांचे हस्तुकीं प्रतिश्ठेचो पुरस्कार भेटयलो.

भाशा विद्वानांनी भाशेची उन्नती आनी उदरगती खातीर पुराय जीणभर केल्ल्या वावरा खातीर तांकां राज्य सरकार हो पुरस्कार भेटयता. शाल, श्रीफळ, मानपत्र, स्मृतीचिन्न आनी एक लाख रुपया अशें ह्या पुरस्काराचें स्वरुप आसा.

रिवणा पुरस्कांर भेटोवपाच्या सुवाळ्यांक संचालनालयाचे पालवी संचालक श्री. अनील सावंत, संस्कृत भाषातज्ञ आनी साहित्यीक श्री. लक्ष्मण पित्रे, राजभाशा संचालनालयाचे अधिकारी श्री. सेबी फर्नांदीश, श्री. महाजय गाड, श्रीमती अनुसया गावस, डॉ. पाटील हांची घरकान्न सौ. अपर्णा पाटील, तांचे घरचे, विद्यार्थी आनी हेर मानेस्त हजर आशिल्ले.

सुरवातीक राजभाशा संचालक श्री. प्रसन्न आचार्य हांणी येवकाराचें उलोवप केलें. पालवी संचालक श्री. अनील सावंत हांणी भाशा पुरस्कार येवजणेचो उद्देश सांगलो. श्री. लक्ष्मण पित्रे हांणी मानपत्राचें वाचन केलें.

ह्या वेळार, डॉ. देवदत्त पाटील आनी श्री. लक्ष्मण पित्रे हांणी आपले विचार उक्तायले.

कुळें हांगा जाल्ल्या सुवाळ्याक श्री. पुंडलीक नार्वेकर हांची घरकान्न सौ. नार्वेकर , तांची घरची, राजभाशा संचालनालयाचे अधिकारी आनी गांवचे लोक हाजिर आशिल्ले.

कार्यावळीचें सूत्रसंचालन कनिष्ठ भाषांतरकार सौ. अनुसया गावस हांणी केलें.

पालवी संचालक श्री. अनील सावंत हांणी उपकाराचें उलोवप केलें.

म्हा /सप/ प्रना / विगां/ 2021/765

-

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji